प्रादेशिक खबरो   15.०८.२०२५ @ ७.20

आयज देश 79वो स्वातंत्र्य दीस मनयता

राज्याची सर्वांगीण उदरगत करपा खातीर सरकार कटिबद्ध आसाअशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हानी म्हणला

राज्याचो आनी राज्यांतल्या लोकांची उदरगत करपाचें ध्येय मतींत दवरून राज्याचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंतय उत्कृश्ट काम करता अशे आमदार दिगम्बर कामत हाणी म्हणला

पुराय गोयभर  स्वातंत्र्यस्वत दिसाच्यो कार्यावली जाल्यो

Pm 60

आयज देश 79वो स्वातंत्र्य दीस मनयता. दिल्लींत इतिहासिक  लाल किल्यावेल्यान ह्या  उत्सवाचें फुडारपण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी केले. देशांतल्या तरणाट्यां खातीर एक लाख कोटी रुपयांची प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार येवजण जाहीर केली. हे येवजणे खाला खाजगी क्षेत्रांत नवी नोकरी करपी तरणाट्यांक एक म्हयन्याचो  ईपीएफ वेतन प्रोत्साहन म्हणून 15 हजार रुपया मेरेन सरकारा कडच्यान  दितले. ही रक्कम स म्हयन्यांच्या दोन हस्यांनी दितले.

CM500

राज्याची सर्वांगीण उदरगत करपा खातीर सरकार कटिबद्ध आसा. राज्याचो उज्वल, सुरक्षीत फुडार मतींत दवरून सरकार राज्याक आत्मनिर्भर करपा खातीर दरेका क्षेत्रांत पावलां उबारता अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांनी आज पोरणे सचिवालय पणजी हांगा भारताच्या ७९ व्या स्वातंत्र्यदिसाच्या उत्सवानिमित्त तिरंगा हुबयले उपरांत  उलयताना  सांगले. राज्याची अर्थीक उदरगत व्हड

उद्देगांचेर आदारून आसा आनी देखून गुंतवणूक प्रोत्साहन मंडळा वरवीं राज्यांत रोजगार निर्माण करपी हरित उद्देगां खातीर दारां उक्तीं दवरल्यांत अशें सरकाराचें मत आसा अशें तांणी फुडें सांगलें. डबल इंजिन सरकाराक लागून भलायकी, शिक्षण, खेळां उद्देग आनी हेर मळार घटमूट मुळावी बांदावळ तयार करपाक सरकाराक येस आयलां अशें मुख्यमंत्र्यान फुडें सांगलें. प्रशासनाक लोकांच्या दारांत व्हरपाचे सरकाराचे  यत्न सुरू आसात. गोंयच्या लोकांची आस्त आनी आकांक्षा फुडाराक विकसीत भारताची बुन्याद तयार करतली. हॉस्पिटॅलिटी उद्देग क्षेत्रा खातीर कुशळ मनीसबळ दिवपा खातीर गोंयभरांतल्या 13 आयटीआय वरवीं वेगवेगळे अभ्यासक्रम चालीक लायल्यात. गोंय मुख्यमंत्री अप्रेंटिसशिप धोरण सोडल्यार राज्यांतल्या 27 हजार तरणाट्यांक रोजगाराची संद मेळटा. बायलां सशक्तीकरणा खातीर आरडीए खात्या वरवीं वेगवेगळी येवजण चालीक लायल्या.
गोंयच्या आदिवासी समाजाक जायतीं वर्सां जमनीचे मालकी हक्क पासत वंचित दवरील्ले जे आता सरकारने मंजूर केले. ते भायर राज्याचे उदरगतींत तांची म्हत्वाची भुमिका मतींत घेवन खासा पगार वाडी सयत तात्पुरतो दर्जो दिला. शाळां खातीर फावो ती मुळावी बांदावळ दिवपाचे वचनबद्धतेचेर भर दितना मुख्यमंत्र्यान सांगलें, कुजिरा शाळा संकुलाच्या अनुरूप मडगांवांत शाळा संकुल बांदपाचो सरकाराचो हेतू आसा. गोंय विद्यापिठान ए+ नेक  मान्यताय मेळयल्या जी वास्तुकलेचो सर्वोत्तम पुरावो. गोंय फार्मसी महाविद्यालय, ललित कला महाविद्यालय, गोवा गृह विज्ञान महाविद्यालय, गोवा वास्तुशास्त्र महाविद्यालय, गोंय संगीत महाविद्यालय अशा प्रतिश्ठीत संस्थांक सुवात मेळची हे खातीर ह्या विद्यापिठाच्या आवारांत जमीन मेळयल्या. अशे तानी सांगळे

उपरांत मुख्यमंत्र्यान वेगवेगळ्या विशयांतल्या पुरस्कार विजेत्यांक त्यांच्या गुणवंत सेवेबद्दल सन्मानित केले. विशिश्ट सेवा पुरस्कारांक राष्ट्रपती पुलीस पदक मेळोवपी निवृत्त, आयपीएस उपमहानिरीक्षक बॉस्को जॉर्ज उप महानिरीक्षक, सुनीता सावंत उप महानिरीक्षक सिद्धान्त शिरोडकर आसात तर गुणवंत

सेवेखातीर पुलीस पदक उप महानिरीक्षक विल्सन सी. डी'सूझा, उपमहानिरीक्षक तुषार एन. नार्वेकर, आनी दामोदर मायेनकर हाका दिले. राष्ट्रपतीचें उजो पालोवपी सेवा पदक उपमहानिरीक्षक उल्हास गांवकार हांकां फावो जालें. उजो पालोवपी दळ आनी आपत्कालीन सेवा खात्याच्या अधिकाऱ्यांक उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा खात्याचे अधिकारी नितीन व्ही. रायकर आनी विभागाचे संचालक आयएएस प्रविमल अभिषेक पोलुमतला यांना प्रदान केले प्रशंसा पुरस्कार गौरेश कुर्तीकर, सचिव जीपीएससी, पोंडा तालुका यांचा मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तकि सत्कार केलो. . स्वयंपूर्ण मित्र म्हणून काम केल्ल्या नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन संचालनालयाचे अधिकारी धीरज एस. परब महसूल, विभाग अधिकारी सेलिना मारिया रॉड्रिगीस, सहाय्यक व्यवस्थापक, गोवा कोयर व्यवस्थापन महामंडळचे रजत आर चितारी सार्वजनिक बांधकाम विभागाची अभियनता ए. रोसालिना केटानो हन्चोय भौमान केलो. महसूल मंत्री अतनासिओ मोन्सेरात, राज्यसभा खासदार सदानंद शेत तनावाडे, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव , सेंट क्रूझ आमदार रुडोल्फ फर्नांडीस, वेगवेगळया सरकारी खात्यांचे मुखेली, स्वातंत्र्य झुजारी, नामनेचे नागरिक आनी हेर मानेस्त हे कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

मजगती महाराष्ट्र आणि गोवा राज्यात वेगवेगळया गौरवांनी सन्मानित विजेत्यांची नावा अशी राष्ट्रपती विशिष्ट सेवा पदकाचे मानकरी जुबेर अब्दुल रजाक मोमीन, हेड कॉन्स्टेबल

अत्युत्कृष्ट सेवा पदकचे पोलीस दलाचे

1. गुरुदास नारायण गावडे, पोलीस अधीक्षक

2. गुरुदास आनंद कदम, पोलीस उपअधीक्षक,

गृहरक्षक आणि नागरी संरक्षण सेवा विभागाचे

गृहरक्षक स्वयंसेवक रामचंद्र यशवंत तुळसकर, हांका फाव जाली

सुशांत 180

मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हांणी आयज माथानी साल्ह्याना प्रशासकीय संकुल, मडगाव हांगा स्वातंत्र्य दीस निम्तान राष्ट्रीय तिरंगो हुबयलो ह्या वेळार उलयतना कामत हांणी भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर आपलो प्राण ओपपी स्वातंत्र्य झुजाऱ्यांक श्रद्धांजली ओपली. पुर्विल्ल्या कलेंत रुजील्ल्या भारताचे संस्कृतायेन भारत एकवटीत दवरला आनी आयज मेरेन तो संवसारांतलें क्रमांक एक राष्ट्र जावपाच्या वाटेर वचपाची मोख घेवन मुखार वता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या घटमूट फुडारपणाखाल भारत सर्वांगीण उदरगतीच्या मार्गाचेर आसा.

गरीब कल्याण येवजणे खाला सुमार 80 कोटी लोकांक फुकट अन्नधान्य दिवपी भारत हो पयलो देश जाला जो चडांत चड लोकांक फुकट रेशन दिता.

आयुषमान भारत येवजण वरवि 12 कोटी कुटुंबांतल्या सुमार 55 कोटी नागरिकांक हे येवजणेचो लाव मेळटा. तेच प्रमाण प्रधानमंत्री फसल बीमा येवजण, प्रधानमंत्री आवास येवजण अशो वेगवेगळयो येवजण्यो संवसारांतल्या सगळयांत व्हडल्या लोक कल्याण येवजण्यो जाल्यात अशें तांणी सांगलें.

देशाच्या प्रधानमंत्रीच्या पावलांचेर पावल दवरून राज्याचो आनी राज्यांतल्या लोकांची उदरगत करपाचें ध्येय मतींत दवरून राज्याचे मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद

सावंतय उत्कृश्ट काम करतात. स्वयंपूर्ण गोंय चळवळीय म्हत्वाची जाल्या. मुखामंत्री रोजगर येवजण, म्हाजे घर येवजण, गृह आधार, लाडली लक्ष्मी, किसान क्रेडीट कार्ड, अटल आसरा येवजण, भलायकी येवजण अशा वेगवेगळया येवजण्यां खाला नागरिकांक फायदे मेळपाक लागल्यात अशे सांगले.

रश्मी 150

गोंय कॉंग्रस पक्षावतीन आयज पणजे कॉंग्रेस हावसामुखार स्वतत्रदिसाची कार्यावळ जाली. ह्यावेळर प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार हांणी तिरंगो हुबयलो. ह्य कार्यावळीक कॉंग्रेसीची राश्ट्रीय सचिव तशेंच गोंय प्रभारी अंजली निंबाळकर, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, आमदार कार्लोस फरेरा, कॉंग्रेसीचे फुडारी विजय भिके, तशेंच कॉंग्रेस पक्षाचे कार्यकर्ते हाजीर आशिल्ले.

ह्यावेळार विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयकारांक स्वातंत्र्य दिसाची परबी भेटयल्या. आयज आमचो देश वेगवेगळय मळार प्रगती करता भारताची लोकशाय ही श्रेश्ठ आसा , सुटके झुजाऱ्यांनी दिल्ले योगदान, हे महत्वाचे आसा अशे युरी हाणी म्हणला.तशेंच महात्मा गांधी, नेताजी सुभाश चंद्र बोस, बाबासाहेब आंबेडकार, सरदार वल्लभ पटेल हांतोय उगडास ह्यावेळार काडुन तांचे योगदान आयच्य तरणाट्या पिळगेन तांचे देशाप्रती केल्या कामाची म्हायती जाणुन घेवची अशे म्हणला. आम आदमी पक्षावतीन लेगीत पणजे आप कार्यालय वाठारात आयज स्वातंत्रदिसाच्या फांटभुयेर खासा कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. ह्यावेलार दिल्लीची आदली मुखेलमंत्री आतिशी मारलेना हीणे तिंरगो हुबयलो. ह्यावेळरा आपाचे प्रदेश अध्यक्ष अमित पाटकार, तशेंच फुडारी वाल्मिकी नायक, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

Dip 110

समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाई यांनी आज केपे हंग राष्ट्रध्वज हुब्लो. देशातील युवकांमदी राष्ट्राक प्रत्येक क्षेत्रात सक्षम करपाची प्रचंड क्षमता असा अशे तानी म्हणले.ताणी नशा मुक्त भारत मोहिमेर भर दिला आणि लोकांक ड्रग्ज आणि हेर वाईट सवयींपासून पयस रावपाचे आवाहन केले. त्यांनी देशात अशिली एकता आणि सौहार्द आणि विविध संस्कृती, धर्म आणि भाषा असूनय राष्ट्र आपल्याक कसे एकसंध आणि घटमुट दवरता हाचेर भर दिलो

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या फुडारपणा खाला देशात मेक इन इंडिया मोहीम राबयताना, भारतान प्रचंड वाढ पळयली जातून देशांतर्गत संरक्षण शस्त्रे आणि हेर मुळव्या सुविधांचे उत्पादन करपाची क्षमता त्यांनी दाखयली ताणी सांगले. फळदेसाई यांनी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत यांच्या सर्वसामान्यांच्या कल्याणाखातीरच्या प्रयत्नांचे कौतुक केले. राज्यात तिसरो जिल्हा निर्माण करण्याच्या सरकारच्या निर्णयाचेय त्यांनी स्वागत केले.

Dip 1२0

स्वातंत्र्य दीस हो एका दिसाचो उत्सव न्हय, आत्मनिर्भर जावपा खातीर नेमान काम करपा खातीर हो दीस आसा, अशें पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी आयज म्हापसा हांगा स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात तिरंगो बावटो हुबयल्या उपरांत उलयतना सांगलें.

भारताच्या स्वातंत्र्याचे म्हत्त्व सांगतना खंवटे हांणी सांगलें की, स्वातंत्र्याक लागून आमी देशाची प्रगती करपाक शकले. आयज देशान साबार क्षेत्रांत भरपूर प्रगती केल्ले आसून "राष्ट्राक प्रगतीपथार व्हरपा खातीर लोकांचो सहभाग खूप मत्त्वाचो आसा, अशें तांणी सांगलें.

गोंय राज्यांक  स्वयंपूर्ण करपा खातीर राज्य सरकार सगळें तरेन प्रयत्न करता गोंय सरकारान राज्यांत पर्यटनाच्या वाडिखातीर दर्जेदार साधनसुविधां निर्माण केल्ल्यो आसून आताच  होमस्टे आनी बेड अँड ब्रेकफास्ट धोरणय चालीक लायला. अशें पर्यटन मंत्र्यान सांगलें.

मजगती गोयच्या हेर वाठाराणीय आमदार मंत्र्यनी स्वतंत्र दिसाच्या कार्याव्लीत वाटो घेतलो मत्स्योध्योग मंत्री नीलकंठ हळर्णकर यांनी पेडणे उपजिल्हाधिकारी आणि उपविभागीय कार्यालयात राष्ट्रध्वज हुबयलो

कृषी मंत्री रवी नाईक यांनी आज फोंडा क्रांती मैदानर  राष्ट्रध्वज हूबयलो

स्पोर्ट्स 15

राज्य स्तरीय जेष्ठ फिडे मानाकन बुद्धिबळ अजिंक्यपद सरतिक आसगाव खोर्ली हांगा dmc सभा घरात सुरवात जाली

IMD २0

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 26.4  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.